## गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो माळो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळ:http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्र. 8, वर्स 2020**

सकयल दिल्ल्यां पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात. अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 25.09.2020 आसा.ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी विज्ञानीक पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवंक पात्र आसतलेच अशे ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, "सुचोवण्यांनी" नमुद केल्ल्या प्रमाणें मुलाखतीक आपोवंक, आयोग उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

### I. गोंय वैजकी महाविद्यालय

**1.व्याख्याते :**

**(i) शल्यचिकित्सा (Surgery) .......4 पदां (1 पद हेर मागास वर्गीयां खातीर आरक्षीत)**

**(ii) विकिरणतज्ञ (Radiology) .......4 पदां (1 पद हेर मागास वर्गीयां खातीर आरक्षीत)**

**(iii) अस्तिरोग शल्यचिकित्सा (Orthopaedic surgery) ..... 3 पदां (1 पद हेर मागास वर्गीयां खातीर आरक्षीत)**

**(iv)प्रसुतीशास्त्र आनी अस्तुरी रोगशास्त्र (Obstetrics and Gynaecology).....1 पद (हेर मागास वर्गीयां खातीर आरक्षीत)**

**वेतन श्रेणी:** रू.15,600-39,100+6600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें) **पिराय :** 45 वर्सां परस उणी.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय :-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसरे वळेरीच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय

वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 13 (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय.(ii) संबंदीत खासा विशेशतायेंत वा तत्सम हातूंतल्यान पदव्युत्तर पदवी. (iii) आवश्यक पदव्युत्तर पदवेची पात्रताय मेळयल्या उपरांत वैजकी महाविद्यालय/ शिक्षणीक संस्थेंत वरिश्ठ निवासी /निबंधक/अनुशिक्षक (Tutor)/निदर्शक (Demonstrator) म्हूण संबंदीत विशेशतायेंत उण्यांत उणो 3 वर्सांचो अणभव आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक**:- मराठीचें गिन्यान

**<u>II. भलायकी सेवा संचालनालय</u>**

**2. वरिश्ठ मानसोपचारतज्ञ (Senior Psychiatrist) ....1 पद (3 रे फावटी)**

वेतन श्रेणी: रू.15,600-39,100+**6,600/-(पूर्व-सुदारीत)(सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें)**

पिराय- **45 वर्सां परस उणी.**

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:**(i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्याताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसरे वळेरीच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 13 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) संबंदीत विशेशतायेंत पदव्युत्तर पदवी आसूंक जाय. (iii) पदव्युत्तर पदवी मेळयल्या उपरांत संबंदीत विशेशतायेंत जापसालदारकेच्या पदाचेर 3 वर्सां कामाचो अणभव आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक –** मराठीचें गिन्यान.

**3.कनिश्ठ गुंगीतज्ञ (Junior Anaesthetist)..... 2 पदां (1 पद हेर मागास वर्गीयां खातीर आरक्षीत)**

वेतन श्रेणी: रू.15,600-39,100+**5,400/- (पूर्व-सुदारीत)(सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें)**

पिराय- **45 वर्सां परस उणी.**

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्याताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसरे वळेरीच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 13 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) पदव्युत्तर पदवी जरी नासल्यार, संबंदीत विशेशतायेंत पदव्युत्तर पदविका आसूंक जाय. (iii) पदविका प्राप्त

उमेदवारांक, पदव्युत्तर पदविका मेळळया उपरांत 2 वर्सां संबंदीत विशेशतायेंत जापसालदारकेच्या पदाचेर काम केल्ल्याचो अणभव आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** :मराठीचें गिन्यान.

## <u>III.गोंय पुलीस खातें</u>

**4.फॉरेन्सिक विज्ञान प्रयोगशाळेत वैज्ञानीक सहाय्यक आनी फोटोग्राफर (Scientific Assistant cum Photographer in Forensic Science Laboratory) ..... 2 पदां**

वेतन श्रेणी: **सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 6 प्रमाणें** पिराय- **45 वर्सां परस उणी.**

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (I) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान विज्ञान शाखेंतल्यान उण्यांत उणी द्वितीय श्रेणींतली पदवी. (ii) मान्यताय प्राप्त संस्थेंतल्यान फोटोग्राफींत पदविका वा सर्टिफिकेट कोर्स इन ऍडवान्सड फोटोग्राफी.(iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** : (I) संगणक साक्षर आसूंक जाय. (ii) मराठीचें गिन्यान.